आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

प्रादेशिक खबरविभागा

मुखेल खब्रो

मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी शेतकरी आधार निधी येवजणेखाला  अवकाळी पावसाक लागुन  लुकसाणा जाल्या शेतकारांक आयज ३ कोटी ६८ लाख रुपयाची अर्थिक मजत मंजुरी पत्रा वाटली .

उद्देग खात्यातर्फे येत्या वर्सा 30 हजार उद्देजकांक प्रशिक्षण दिवपाची मोख आसा, अशे उद्देगमंत्री मावीन गुदिन्हो हांणी म्हणला

येस मेळोवपाक शॉर्टकट नासतात तेखातीर खर यत्न करचे पडटात अशें मत अभिनेती वर्षा उसगांवकार हांणी उक्तायलें.

कला आनी संस्कृती संचालनालयान नाताला निमतान आयोजीत केल्या राज्य पावंड्यावयल्या गोठो सजावट सर्तीचो निकाल जाहीर केला

रश्मी 140

शेतजमनी पडीक दवरु नाकात, तातुन पीक घेयात, सरकार शेतकाराक सदाच वेगेवगळ्या येवजण्यांवरवी तेको दिता. कम्युनिटी फार्मिंग येवजण सरकार फुडल्या १५ दिसा भितरचालीक लायतले  अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या. भातशेतीच्या पारंपरीक शेती सयत, mixed cropping पध्दत, हरसाणो. चवळी, फुलांची लागवड, फळांची लागवड, डेअरी लागपी गोरवांचे खाणाच्या चाऱ्यांची शेती,हळद, तशेंच वायंगण शेती आनी हेर पिकावळीतल्यान शेतकाराक बरे उत्पन्न जोडु येता अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. हालीच आडवेळ्या पावसाक लागुन शेताचे लुकसाणा जाल्या शेतकारांक शेतकरी आधार निधी वरवी अर्थिक मजत दिवपी मंजुरी पत्राच्या वाटपाच्या कार्यावळीत मुखेलमंत्री - उलयताले .

SHETKARIAADAHAR निधी SCHME

ह्या येवजणेवरवी ३हजार ९५० शेतकारंक ३ कोटी ६८ लाख रुपयाच्या अर्थिक निदीची मजत केला अशे तांणी म्हळा. ह्यावेळार मयेचे आमदार प्रेमेंद , दिवचलचे आमदर दोतोर चंद्रकां शेट्ये, गोंय शेतकी खात्याचे संचालक संदिप फळदेसाय, शेतकार,तशेंच हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले. ह्या येवजणेवरवी अर्ज केल्लया पात्र थारपी १०० टक्के शेतकारांचे अर्ज मान्य केल्यात अशे ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान म्हळा.

राजेश ७०

मये मतदार संघातल्या नार्वे ग्रामपंचायतीचे नवे सरपंच म्हणून तुकाराम गावडे हांची बिनविरोध निवड जाल्या. पंचायत कार्यालयात जाल्या एक बसकेत तुकाराम गावडे हांची बिनविरोध निवड जाली. ह्यावेळार पंचायतीची उपसरपंच सिद्धी नाईक ,पंचवंगडी संदेश पार्सेकर ,उन्नती पडोलकर, सिद्धेश पार्सेकर हजर आसले. सरपंच पदार निवड जाले उतरांत सरपंच तुकाराम गावडे हाणीं सांगले की मतदार संघाचे आमदार प्रेमेंद शेट यांच्या मार्गदर्शनाखाला नार्वे पंचायत वठारातल्या सगळ्या प्रभागांनी मतभेद न दवरता आपुण सर्वांगीण उदरगती खातीर वावुरतलो

जावडेकर 140

उद्देग खात्यातर्फे येत्या वर्सा 30 हजार उद्देजकांक प्रशिक्षण दिवपाची मोख आसा, अशे उद्देगमंत्री मावीन गुदिन्हो हांणी म्हणला.

गोंयांतले आपमजत गट तशेंच ल्हान आनी सुक्ष्म उद्देगांच्या बायलां वांगडा उद्देग मंत्री मावीन गुदिन्हो हाणी संवाद सादलो. ह्या संबोधनांत खात्याच्या अधिकाऱ्यांनी आपमजत गट तशेंच एमएसएमई उद्देजकां खातीर आशिल्या येवजणेची म्हायती दिली. सरकारी येवजणेचो लाव कसो घेवप. केंद्रीय तशेंच राज्य सरकाराचे येवजणेखाला मेळपी निधी तशेच हेर गजाली लोकां मेरेन कशो पावोवप हाची म्हायती दिवपा खातीर खात्यान पांच तंज्ञाचो पंगड वेंचला, अशी म्हायती गुदिन्हो हांणी दिली.

बायलां उद्देजका खातीर आमी उत्तर आनी दक्षीण गोंयांत सुविधा केंद्रा उबारल्यात. बायलांनी हांचो आदार घेवचो. पंचायत पांवड्यार फकत एका कार्यावळींत लोक उमेदीन आपली उत्पादना विकतात. पूण ते एका दिसा पुरते मर्यादीत उरता. ह्यो कार्यावळी पंचायत पांवड्यार सुरूच उरपाक जाय, असो सल्लो गुदिन्हो हांणी दिलो. तशेच तंत्रगिन्यानाचो उपेग उद्देगिक मळार वाडपाची गरज आसा अशे तांण ह्यावेलरा खासा नमुद केला.

येस मेळोवपाक शॉर्टकट नासता. आयच्या ह्या सर्तींच्या काळांत खंयच्याच मळार कश्टाक पर्याय ना, अशें मत अभिनेती वर्षा उसगांवकार हांणी उक्तायलें. गोवा चेंबर ऑफ कॉमर्स अँड इंडस्ट्री वतीन आयज जाल्या अस्तुरी कार्यावळीच्या उक्तावण सुवाळ्यांत ती उलयताली. ह्या वेळार संघटनणेची अध्यक्ष प्रतिमा धोंड, एमएसएमई संचालक एम के मीना, सँड्रा फर्नांडीस, संजय आमोणकार हाजीर आशिल्ले.

वेवसाय वा हेर खंयच्याय मळार करिअर करपी बायलांक कश्ट करचे पडटात. घरांतल्यान चेंपण आसून लेगीत बायलो मुखार येवन आपले करिअर फुडें व्हरतात ही बरी गजाल आसा, अशे तिणे म्हणले. फाटल्या तीन वर्सांत हांगा स्टॉल उबारपी 275 गटांक 85 लाख रुपया निधी दिला, अशे एमएसएमई संचालक एम के मीना हाणी सांगले. बायलां उद्देजकांनी तयार केल्ले वेगेवगळ्या वस्तुचे प्रर्दर्शन हांगा भरला. हें प्रदर्शन 4 जानेवारी 2026 मेरेन सकाळीं 10 ते रातीं 8 मेरेन उक्तें आसतलें. तशेच दोन दीसाच्य ह्या प्रदर्शनात वेगेवगळ्या सर्तींचे आयोजन केला.

RASHMI ७०

12- 16 जानेवारीक जावपी शियाळी अधिवेशनाक पर्यावरणाचो इबाड, वाडटे गुन्ह्याव, अपघात, बेरोजगारी, म्हागराय, भ्रष्टाचार, तशेचं प्रशासनाचे अक्याक्षमता, तशेच सराकरान पुराय करुंक नाशिल्लया आस्वासनावेल्यान सराकराक धारेर धरतले अशी म्हायती विरोध पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हांणी दिला. नव्य वर्सतले हे पयले धिवेशन आसतले. जाल्यार ह्या पाच दिसाच्या ह्या अधिवेशनाची सुरुवात राज्यपाल पुसापती अशोक गजपथी राजु हांच्या अभिभाशणात जातली. ह्यावेळार सभाघराच्या कामकाजात प्रस्नोतराचे वर, लक्षवेधी सुचोवण्यो, विधेयक सादरीकरण, तशेचं अभिनंदन थाराव असा पध्दतीचे कामकाज जातले.

DIP २७०

कला आनी संस्कृती संचालनालयान नाताला निमतान संस्थां/पंगड आनी वैयक्तीक/घरगुती अशा दोन गटांखातीर आयोजीत केल्ल्या राज्य पावंड्यावयल्या गोठो सजावट सर्तीचो निकाल जाहीर केला. गोंयांत गोठो सजावटीची परंपरा तिगोवन दवरपा खातीर दर वर्सा खात्यावतीन अशी सर्त आयोजीत करपात येता. ह्या वर्सा सर्तींत संस्थां/पंगड गटात 25 आनी वैयक्तीक/घरगुती गटात 55 जाणांनी वाटो घेतिल्लो.

संस्थां/पंगड गटात सर्तीचे पयले 40,000/- रूपयांचे इनाम मांडोप बॉयस, कपेलवाडो, नावेली साश्ट, दुसरे 35,000/- रूपयांचे इनाम तळपा खुरीस स्पोर्टस एण्ड कल्चरल क्लब, दिकारपाली नावेली, तिसरे 30,000/- रूपयांचे इनाम क्रियेटिव्ह बॉयस, फोन्साभाट वाडी मेरशी, चव 25,000/- रूपयाचे इनाम झोन 9, सारझोरा चिंचीणी साश्ट, पाचवें 20,000/- रूपयांचे इनाम नेविटी क्रिव्ह ऑफ होली स्पिरीट चर्च, फातोर्डा मडगांव हांका जाल्यार उमेद वाडोवपी प्रत्येकी 15,000/- रूपयांचे

इनाम आनी प्रशस्तीपत्र होली क्रॉस बॉयस, खामामळ-कुडचडे, क्रॉस बॉयस ऑफ कारमोणा, आलेमाव शिर, कारमोणा साश्ट, सेंट जोसेफ प□रीश यु□, धर्मापूर साश्ट, होलीक्रॉस युनिव्हर्सल, खांडेपार, उजगांव आनी प□रीश यु□ ऑफ सेंट एनी चर्च, आगोंद-काणकोण हांका फावो जाला.

वैयक्तीक/घरगुती गटात पयले 25,000/- रूपयांचे इनाम आनी प्रशस्तीपत्र आर्मस्ट्रॉग पी. द मिनेझिस, घर नं. 466, होली क्रॉस चपेला लागी, आके बायश, नोवेली साश्ट, दुसरे 20,000/- रूपयांचे इनाम आनी प्रशस्तीपत्र मिंगेल फर्नांडिस एण्ड सन्स, सांताकृज-फोंडा, तिसरे 15,000/- रूपयांचे इनाम आनी प्रशस्तीपत्र रिचर्ड सी. काल्देरा, सांताकृज-फोंडा, चव□ 12,000/- रूपयांचे इनाम आनी प्रशस्तीपत्र आमरॉय व्हिएगस, ताळगांव कार्दोयवाडो आनी पाचवे 10,000/- रूपयांचे इनाम लाडि ए. रॉकन, कांपाल पणजी हांका फावो जाला. जाल्यार उमेद वाडोवपी प्रत्येकी 7,000/- रूपयांचे इनाम आनी प्रशस्तीपत्र ड□रिक डायस, आको बायश, गावठा मरड, नावेली, साश्ट, सानियो ज्योविन नोरोन्हा, बोर्डा मडगांव, आलेक्स सिल्वेरा, शिरोडा फोंडा, झेव्हियर फर्नांडिस, वाडी-मेरशी आनी दुआन एंजेलो पेरेरा, गावसावाडो- म्हापसा हांका फावो जाला.

जाण 45

मनरेगाच्या बदला आयिल्लो नवो - विकसीत भारत जी राम जी कायद्याच्यो तरतुदी गांवच्या उदरगतीक लावकारक आसा अशें वेरे- वाघुर्मे पंचायतीच्यो सरपंच शोभा पेरणी हांणी सांगला. आदिच्या कायद्यात वर्सुकी १०० दिसांची रोजगाराची तरतुद आशिल्ली ती आता नव्या कायद्यात वाडोवन १२५ दिस केल्या अशी तांणी म्हायती दिली.

राजेश ९५

साखळी नगरपालिका आनी राज्य शहरी उदरगत मंडळ हांच्या जोडपालवान अमृत 2.0 मिशनाखाला साखळेच्या वाळवंटी न्हंयचे देंगेर जावपी सौंदर्यीकरण आनी उदरगत कामांचो बुनियादी फातर बोसोवपाचो सुवाळो फाल्यां 4 जानेवारी 2025 दिसा सकाळी 10 वरांचेर साखळी हांगसर जातलो. या सुवाळ्याक मुखेल सोयरे म्हुण म्हणून राज्याचे मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हजर आसतले. त्यांच्या सांगतात मंत्री विश्वजीत प्रतापसिंग राणे मानाचे सोयरे म्हणून हजर आसतले .त्याच प्रमाण साखळी नगरपालिकेची नगराध्यक्ष सिद्धी प्रभू पोरब, उपनगराध्यक्ष दयानंद बोर्येकर, शहर उदर्गत महामंडळाचे सचिव यतींद्र मरळकर,जी सुडाचे वांगडी सचिव ब्रिजेश मणेरकर, नगरसेवक आनंद काणेकर हजर आसतले. हो सुवाळो साखळी नगरपालिका इमारत वाठारात जातलो.

हवामान

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाणआयज पणजेत चडात चड तापमान३0.6औंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे तापमान २१.1  औंश सेल्सिअस नोंद जाला.तशेच मुरगावात चडात चड तापमान३0 .8औंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे तापमान 19.6 औंश सेल्सिअस नोंद जाला . तशेच राज्यात हवामान  सुके  आसतले. हलके ते मध्यम प्रमाणात धुके पातळू येता अशे वेधशाळेन म्हणला

खेळ

गोंय क्रिकेट संघटणेच्या सांगें मैदानार चालू आशिल्ल्या कूच बिहार 19 वर्सां सकयल्या ट्रॉफी एलीट क्रिकेट सर्तीच्या प्री-क्वार्टर फायनलींत मध्य प्रदेशान दुसरो दीस सोंपता म्हणसर येजमान गोंय पंगडा आड 157 धांवड्यांची व्हड आघाडी घेतली.

आता PARTUN EK FAVAT MUKHEL  खबरो

मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी शेतकरी आधार निधी येवजणेखाला  अवकाळी पावसाक लागुन  लुकसाणा जाल्या शेतकारांक  आयज ३ कोटी ६८ लाख रुपयाची अर्थिक मजत मंजुरी पत्रा वाटली .

उद्देग खात्यातर्फे येत्या वर्सा 30 हजार उद्देजकांक प्रशिक्षण दिवपाची मोख आसा, अशे उद्देगमंत्री मावीन गुदिन्हो हांणी म्हणला

येस मेळोवपाक शॉर्टकट नासतात तेखातीर खर यत्न करचे पडटात अशें मत अभिनेती वर्षा उसगांवकार हांणी उक्तायलें.

कला आनी संस्कृती संचालनालयान नाताला निमतान आयोजीत केल्ल्या राज्य पावंड्यावयल्या गोठो सजावट सर्तीचो निकाल जाहीर केला

इत्ल्यान ह्यो   खाब्रो सोपल्यो आमचे मुखावेले खब्रापत्र तुमका आईकुपाक मेलतले फाल्या सकाळी 7 जावव 25 मिनिता